# राष्ट्रीय खबरो २९.०१.२०२६ @ ८.४० AM

मुखेल खबरो

- अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आज संसदेत आर्थिक सर्वेक्षण २०२५-२६ सादर करतली.
- महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांचे निमणे संस्कार आज पुणे जिल्ह्यातल्या बारामतीत सकाळी ११ क विद्या प्रतिष्ठान मैदानार पूराय राजकीय सन्मानान जातलो
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी चालू आशिल्ल्या 'इंडिया एनर्जी वीक' चो भाग म्हणून जागतीक उर्जा क्षेत्रांतल्या मुख्य कार्यकारी अधिकाऱ्यांकडे संवाद सादलो
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं पांच मॅचींच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मालिकेच्या चवथ्या मॅचींत न्यूझीलंडान भारता आड 50 धांवड्यांनी जैत मेळयलें.

निर्मला

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आज संसदेत आर्थिक सर्वेक्षण २०२५-२६ सादर करतली. हो दस्तऐवज मुख्य आर्थिक सल्लागारांच्या मार्गदर्शना/खाला अर्थ मंत्रालयाच्या आर्थिक व्यवहार विभागान तयार केला . आर्थिक सर्वेक्षण हे देशाच्या सध्याच्या आर्थिक स्थितीचे आणि फुडारातल्या दृष्टिकोनाचे एक सर्वसमावेशक पुनरावलोकन आसा. केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२६-२७ आय्तारा सादर करतले

प्रजासत्ताक

सतत्यातराव्या प्रजासत्ताक दिसाची सांगता करपी ‘बीटिंग रिट्रीट’ सुवाळो आयज नवी दिल्लीच्या विजय चौकात जातलो. ह्या सुवाळ्याक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्रीय मंत्री उपस्तिथ रावतले. भारतीय लश्कर, नौदल, वायुसेना आनी केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळांचे बँड ह्या सुवाळ्यांत वांटो घेतले. अंदू विजय चौकात  आसन व्यवस्थेच्या सुवाताक देशाचे समृद्ध सांस्कृतिक दायज अधोरेखित करपाक  भारतीय वाद्यांची नावा दिल्यात.

पवार

महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांका काल सकाळी महाराष्ट्रातल्या बारामती हांगा जाल्या विमान अपघातात मरण आयले. नागरी उड्डाण मंत्रालयान माहिती दिली की, vsr  वरवी चलपी लिअरजेट ४५ (व्हीटी-ssk) विमानाचे काल सकाळी बारामती विमानतळार क्रॅश लँडिंग झाले. मंत्रालयान अशेय सांगला की, महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री, आनीक दोन कर्मचारी आणि दोन क्रू मेंबर्स सयत विमानात पाच कर्मचारी आशिल्ले. अधिकाऱ्यांनी सांगले की, या अपघातात कोनुच वाचले ना. महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांचे निमणे संस्कार आज पुणे जिल्हयातल्या बारामतीत सकाळी ११ क विद्या प्रतिष्ठान मैदानार  पूराय राजकीय सन्मानान जातलो. महाराष्ट्राचे राज्यपाल आचार्य देवव्रत, मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आणि उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे यांनी बारामतीक भेट दिली आणि महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांका श्रद्धांजली ओपली. त्यांनी अजित पवारांची घरकान सुनेत्रा पवार आणि चुलत भयण सुप्रिया सुळे/चीय भेट घेतली. या दुःखद घटने/उपरांत राज्य सरकारान ३ दिसांचो राजकीय दुखवटो जाहीर केला.

आयुष

समग्र भलायकी सेवा दिवपा खातीर देशभरांत सुमार 12 हजार आयुश भलायकी आनी कल्याण केंद्रां स्थापन केल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. केरळांतल्या आर्य वैद्य/शाळा धर्मार्थ हॉस्पिटलाच्या शत वरसुकी उत्सवात उलयतना मोदी हांणी आपल्या 125 वर्सांच्या प्रवासांत आयुर्वेद ही उपचाराची एक बळिश्ट पद्दत म्हणून स्थापन केल्या अशें नदरेक हाडलें. वैद्य हॉस्पिटल स्थापन जाले उपरांत अथक परिश्रम करून दुयेंतीचेर उपचार करतात हाचेर प्रधानमंत्री मोदी हांणी भर दिलो. मोदी हांणी भलायके/खातीर आयुर्वेदाचें योगदान आनी भुमिकेची तोखणाय केली. आयुर्वेदांतल्या बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ले उपचार पद्दतीचेर भर दितना मोदी हांणी सांगले कि ही पद्दत पिळगे पिळगेंतल्यान लोकांचेर उपचार करपाक सदांच उपेगी पडटा. Byte

मोदि

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल नवी दिल्लींतल्या लोक कल्याण मार्ग हांगाच्या आपल्या निवासस्थानार चालू आशिल्ल्या 'इंडिया एनर्जी वीक' चो भाग म्हणून जागतीक उर्जा क्षेत्रांतल्या मुख्य कार्यकारी अधिकाऱ्यांकडे संवाद सादलो. भारताची घटमूट अर्थीक गतीचेर उजवाड घालतना प्रधानमंत्र्यानी सांगलें कि भारत संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जावपाचे दिकेन नेटान वाटचाल करता आनी संवसारीक उर्जेची मागणी आनी पुरवण समतोल दवरपाक निर्णायक भुमिका निभायतलो. ह्या संवादांत तांणी भारताच्या उर्जा क्षेत्रांतल्या म्हत्वाच्या गुंतवणूक संदीचेर भर दिलो. सरकारान सुरू केल्ल्या गुंतवणूकदारांक अनुकूल धोरण सुदारणांचो उल्लेख करून मोदी हांणी संशोधन आनी उत्पादनांत सुमार शबर अब्ज डॉलर गुंतवणूक करपाची तांक उक्तायली. तशेंच संकुचित बायो-गॅस (कॉम्प्रेस्ड बायो-गॅस) क्षेत्रात ३० अब्ज डॉलर्सच्या संधीचेरुय भर दिलो. उच्च पांवड्यावेल्या गोलमेज परिशदेंत संवसारांतल्या आनी भारतांतल्य आघाडीच्या उर्जा कंपनींचें

आनी संस्थांचें प्रतिनिधित्व करपी सत्तावीस  मुख्य कार्यकारी अधिकारी  आनी वरिश्ठ कॉर्पोरेट मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

Pm

गुरू रविदास हांच्या जयंतीनिमित्त  जालंधरांतल्या डेरा सचखंड बल्लनाक आयतारा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भेट दितले . सकाळीं संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत वांटो घेवन प्रधानमंत्री दनपारां डेराक पावतले अशें केंद्रीय मंत्री रवनीत सिंग बिट्टू हांणी सांगलें. प्रधान मंत्र्यांची ही भेट गुरू रविदास जयंतीच्या दिसाच जाता. फाटलीं कांय वर्सां मोदी आपल्या मतदारसंघांतल्या वाराणसींतल्या गुरू रविदासांची जल्मभूंय सीर गोवर्धनाक भेट दितात . जलंधरांतलें डेरा सचखंड बल्लन हें पंजाबांतल्या रवि/दासिया समाजाखातीर एक पवित्र स्थळांपैकी एक मानतात. अंदूच्या पद्मश्री पुरस्कारा खातीर डेरा बल्लनचे मुखेल संत निरंजन दास हाची निवड जाल्या. संत निरंजन दास बल्लन डेरा तशेंच वाराणसी हांगाच्या धर्मीक थळांचे मुखेलीय आसात .

शिवराज

देशाच्या सर्वांगीण विकासाखातीर प्रत्येक स्तरार अर्ध्या लोकसंख्येचे सक्षमीकरण गरजेचे आसा अशे केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी म्हणले. ते राजस्थानात बिकानेर हांगा सामूहिक लग्न आणि प्रतिभा सत्कार समारंभात उलयताले . प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला देशभरात बायला कल्याण आणि सक्षमीकरणा खातीर व्यापक मोहीम सुरू आसा.  बायलांक स्वावलंबी करपाक सतत आणि ठोस पावलां उबारतात. सध्या दोन कोटीं परस चड बायला "लखपती दीदी" जाल्यात आणि फुडारात ही संख्या तीन कोटीं परस चड जावपाची अपेक्षा आसा. चलयांक वजे म्हणून पळयनासतना आशीर्वाद म्हणून पळोवंक जाय, कारण ती आयुष्यभर त्यांच्या पालकांची जतनाय घेतात अशे  सांगुन

यांनी तरुण चलीयांक व्हड स्वप्न पळोवपाचे आणि ती स्वप्ना प्रत्यक्षात  हाडपाक पूराय समर्पण आणि दृढ/निश्चयान काम करपाचे आवाहन केले

रिपब्लिक डे 70

२०२६ च्या प्रजासत्ताक दिस संचलनातले बेस्ट मार्चिंग बँड आनी सर्वोत्तम चित्ररथांचो निकाल जाहीर केला. तीन सेवां मदीं भारतीय नौदलाक सर्वोत्तम मार्चिंग बँड म्हूण जाहीर केला, जाल्यार केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी हेर सहाय्यक दळां मदीं दिल्ली पुलिसांक हो पुरस्कार फावो जाला. राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या श्रेणीत, महाराष्ट्रान 'गणेशोत्सव: आत्मनिर्भरतेचें प्रतीक' या चित्ररथा खातीर पयलें स्थान मेळयलें. केंद्रीय मंत्रालयां आनी खात्यां मदीं संस्कृती मंत्रालयाक 'वंदे मातरम - द spiritual कॉल ऑफ अ नेशन' ह्या चित्ररथाक  पुरस्कार फावो जालो.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान आयज  दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबाचेर दाट धुकें आशिल्ल्यान  थंड ल्हारांचो अदमास काडला. तशेंच बिहार, मध्य-प्रदेश, ओडिशा, राजस्थान, उप-हिमालय, अस्तंत
बंगाल, सिक्किम, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड हांगाय  दाट धुकें पडटलें असो अदमास आयएमडीन दिला. जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टिस्तान आनी मुजफ्फराबाद हांगाय अशीच परिस्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. तशेंच वायव्य आनी मध्य भारतात  उण्यांत उणें तापमान 2 ते 4 डिग्री सेल्सियस ल्हव ल्हव देंवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

क्रिकेट

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं विशाखापट्टणमात जाल्ल्या पांच मॅचींच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मालिकेच्या चवथ्या मॅचींत न्यूझीलंडान भारता आड 50 धांवड्यांनी जैत मेळयलें. पयली फलंदाजी करताना निव्झीलेडान टिम सेफर्टच्या छत्तीस चेंडूंत बासष्ट आणि डेव्हॉन कॉनवेच्या २३ चेंडूंत चववेचाळीस धावडयांच्या मदतीन निर्धारित २० षटकांत सात गडे वगडावन २१५ धांवड्यो केल्यो.

JAALYAR भारताच्या शिवम दुबेन 23 चेंडूंत पासष्ट धांवड्यो तशेच रिंकू सिंगान 30 चेंडूंत एकोणचाळीस धांवड्यो करून भारतान 18.4 ओव्हरींनी एकशे पासष्ट धांवड्यो केल्यो

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

-

- अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आज संसदेत आर्थिक सर्वेक्षण २०२५-२६ सादर करतली.
- महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री अजित पवार हांचे निमणे संस्कार आज पुणे जिल्हयातल्या बारामतीत सकाळी ११ क विद्या प्रतिष्ठान मैदानार पूराय राजकीय सन्मानान जातलो
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी चालू आशिल्ल्या 'इंडिया एनर्जी वीक' चो भाग म्हणून जागतीक उर्जा क्षेत्रांतल्या मुख्य कार्यकारी अधिकाऱ्यांकडे संवाद सादलो
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं पांच मॅचींच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मालिकेच्या चवथ्या मॅचींत न्यूझीलंडान भारता आड 50 धांवड्यांनी जैत मेळयलें.

----------------